**गोंय राज्याविशीं  सकारात्मक प्रतिमा मांडपाचो मुख्यमंत्र्यांचो प्रसार माध्यमांक उलो**

ता. 16 नोव्हेंबर 2020

आंतरराष्ट्रीय मळार गोंय राज्याची सकारात्मक प्रतिमा निर्माण करपा खातीर राज्याच्या विकासाक म्हत्वाचे योगदान दिवपी पर्यटन वेवसाय, पर्यावरण आनी हेर क्षेत्राबाबतीत बरयताना पत्रकारांनी योग्य आनी सकारात्मक दृश्टीकोन बाळगूपाचो उलो मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज राष्ट्रीय पत्रकारिता दिसा म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान पणजे  मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरांत आयोजीत कार्यक्रमात उलयताना मारलो.

गोंय हे देशांतले एक म्हत्वाचे पर्यटन स्थळ आसा आनी दर वर्सा मोठ्या संख्येन देशी आनी विदेशी पर्यटक राज्यांत भेट दितात. राज्याविशीं चुकीची म्हायती प्रसार माध्यमांतल्यान प्रसिध्द जाल्ल्यान ताचो फटको राज्याच्या पर्यटन आनी हेर क्षेत्राक बसता.  त्या खातीर प्रसार माध्यमांनी सकारात्मक लिखाण करून राज्याच्या विकासाक योगदान दिवपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

सरकार पत्रकांर वर्गाच्या कल्याणाखातीर कटीबध्द आशिल्ल्याचे सांगून मुख्यमंत्र्यान ज्येश्ठ पत्रकारांच्या कल्याणा बाबतीत योग्य निर्णय घेवपाचे उतर ह्या वेळार दिले.

ह्या वेळार मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं ज्येश्ठ पत्रकार श्री. सिताराम टेंगसे हांचो जीवनगौरव पुरस्कार 2020 भेटोवन सत्कार केलो. तशेंच पत्रकारीतेतल्या योगदानाखातीर श्री. विल्फ्रेड पेरेरा, श्री. सुरेश वडावाडेकर, श्री. अनंत साळकर, श्री. सुरेश नाईक आनी श्री. सोयरू कोमरपंत हांचोय सत्कार केलो.

तशेंच राष्ट्रीय एकात्मता आनी सामाजीक सलोखो गटांत उत्कृश्ट संपादक  पुरस्कार श्री. परेश प्रभू हांका , ग्रामीण पत्रकारीतेखातीर श्री. महेश गांवकार हांका, भौशीक भलायकी आनी नितळसाण बरपा खातीर श्री. प्रसाद शेट काणकोणकर हांका, बायला, भुरगीं आनी सामाजीक विशयावयल्या बातमी खातीर श्री. सिध्दार्थ कांबळे हांका , खेळां पत्रकारीतेखातीर श्री. मार्कुस मर्गुलाव हांका, कला आनी संस्कृती पत्रकारीतेखातीर श्री. गणेश शेटकर हांका आनी फोटोपत्रकारिते खातीर श्री. राजतिलक नाईक हांका पुरस्कार भेटयलो.

तशेंच म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान आयोजीत केल्ल्या गोंय राज्य फोटो सर्त आनी प्रदर्शन येवजणेचे जैतवंत श्री. राजतिलक नाईक हांका सर्तीच्या दोनीय

गटाचे पयले, “जीवसृश्टी खातीर पर्यावरणाचो सांबाळ” गटातले दुसरे इनाम श्री. नारायण पिसुर्लेकर हांका  आनी श्री. मयुर नाईक हांका तीसरे इनाम जाल्यार शुभम व्ही. नेवगी, अरूणभ भट्टाचार्यजी, शैलेंद्र नाईक, सप्नेश तवडकर आनी गणेश शेटकर हांका उमेद वाडोवपी इनामां भेटयलीं.

“कोवीड-19 आळाबंदाखातीर मुळाव्यों साधनसुविधा आनी हेर सोयी” ह्या गटात दुसरे इनाम उपेंद्र नाईक आनी तीसरे इनाम अमेय नाईक हांका जाल्यार गणेश शेटकर, नारायण पिसुर्लेकर, आनी अरूणभ भट्टाचार्यजी हांका उमेद वाडोवपी इनामां भेटयली.

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री. सुधीर केरकर हांणी आपल्या येवकाराच्या उलोवपात पत्रकारांनी अचुक आनी सत्य बातमी उजवाडावपाचेर भर दिवपाची गरज उक्तायली. आयज वेगवेगळ्या डिजिटल आनी सामाज माध्यमातल्यान असत्य  घडणूको आनी अपुरी म्हायती प्रसारीत जावपाची शक्यताय आसता, अशें तांणी म्हणले.

म्हायती आनी प्रसिध्दी सचीव श्री. संजय कुमार हेवूय कार्यक्रमाक हाजिर आशिल्ले. गुजा चे अध्यक्ष श्री. राजतिलक नाईक हांणी पुरस्कार जैतवंतांची वळख करून दिली.

हो कार्यक्रम गोंय संपादक मंडळ, गोंय पत्रकांर संघ, गोंय फोटो पत्रकांर संघटना, इलेक्ट्रॉनिक माध्यम पत्रकांर संघटना, खेळां पत्रकांर संघटना आनी दक्षीण गोंय पत्रकांर संघटनेच्या जोड पालवान आयोजीत केल्लो.

पालवी म्हायती अधिकारी श्री. श्याम गांवकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/698

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji